**Panaji National 19 AUGUST 2026 6:30 pm**

**आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवीं प्राप्ती गांवकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.**

भारताच्या 2026 वर्साच्या ब्रिकस अध्यक्षतेचो एक भाग म्हूण, युवा वेव्हार आनी खेळ मंत्रालयांतल्या युवा वेव्हार खात्यान आयज गुजरातांतल्या गांधीनगरांत ब्रिकस युवा परिशदेची बसका आनी ब्रिकस युवा शिखर संमेलन आयोजीत केला. ह्या दोन दिसांच्या कार्यावळींत नवोन्मेष आनी टिकाऊ उदरगती खातीर केंद्रीय बळ म्हणून 'युवा शक्ती "हाचेर भर दिला. अधिकृत प्रतिनिधी, तरणाटे नवनिर्माते, उद्देजक, आनी वांगडी आनी भागीदार देशांतले परिवर्तन करपी जायते प्रतिनिधि हे ब्रिकस युवा संयुक्त विधान निश्चीत करपा खातीर आनी वांगडी देशांतल्या लोकांमदले संबंद घटमूट करपा खातीर ह्या विषयावेल्या चर्चेंत वांटो घेतात.

स्पर्धात्मक परिक्षांची तयारी करपी तरणाट्यांक फुकट ऑनलायन प्रशिक्षण दिवपाच्या प्रधानमंत्र्यांच्या येवजणेच्या अंमलबजावणीचो नियाळ घेवपा खातीर केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी हाणी आयज उच्च शिक्षण विभागाच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांची भेट घेतली. ऑनलायन कोचिंगांत देशभराच्या विद्यार्थ्यांक उच्च दर्जाची शिकपाची सामुग्री, तज्ञ मार्गदर्शन उपलब्ध करून दिवन एक बळिश्ट राष्ट्रीय मंच तयार करपाचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें सोशल मिडिया पोस्टांत जोशी हाणी म्हणला.

केंद्रीय मंत्रीमंडळान आयज चार रेल्वे प्रकल्प आनी एक म्हामार्ग प्रकल्प धरून पांच प्रकल्पांक मान्यताय दिली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाच्या फुडारपणा खाला आयज 13 हजार कोटी रुपया परस चड  प्रकल्पांक केंद्रीय मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या, अशे आयज नवी दिल्लींत जाल्ले मंत्रीमंडळ बसके उपरांत प्रसार माध्यमांकांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी  सांगलें

रेल्वेच्या चार मल्टीट्रॅकिंग प्रकल्पांत अस्तंत बंगाल, ओडिशा, तमिळनाडू आनी आंध्र प्रदेशांतल्या आठ जिल्ह्यांचो आस्पाव जातलो अशी म्हायती वैष्णव हाणी दिली. हाका लागून भारतीय रेल्वे जाळयांत सुमार 410 किलोमीटरांची भर पडटली. साधारण साडेणवहजार कोटी रुपयाचो अदमास आशिल्ल्या ह्या प्रकल्पांक 2030-31 मेरेन पुराय करपाचें थारायलां अशी म्हायती अश्विनी  वैष्णव हाणी दिल्या.

भारताच्या अर्थीक वाडीक आतां संवसारीक पांवड्यार मान्यताय मेळ्ळया अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले. आयज नवी दिल्लींत उत्तर प्रदेश-जपान गुंतवणूक शिखर संमेलन 2026क संबोधीत करतना ते उलयताले. ह्यावेळार उलेताना भारत आनी जपान हांचे मदलो संबंद फकत दोन देशांमदलो न्हय, तर दोन सभ्यतायेचो संगम दाखयता अशें केंद्रीय कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी म्हणला.

ह्यावेळार उलंयताना संशोधन आनी तंत्रगिन्यान नवोन्मेष थेट शेतकारां मेरेन पावचे हे खातीर सरकार खाशेले यत्न करीत आसा अशें ताणी सांगले. संशोधन आनी तंत्रगिन्यान नवोन्मेष थेट शेतकारां मेरेन पावचे हे खातीर सरकार खाशेले यत्न करीत आसा अशें ताणी फुडे म्हणला.

**खेळ**

हॉकी खेळांत, नेदर्लंड्सांतल्या एम्स्टेल्वीन हांगा सांजेच्या 6:30 वरांचेर जावपी एफ. आय. एच. विश्वचषकाच्या म्हत्वाच्या पूल डी खेळा सरतींत भारत पाकिस्ताना आड खेळटलो.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज गॉलांत जाल्ल्या दोन मॅचीच्या मालिकेच्या पयल्या कसोटींत भारतान श्रीलंकेक एकशे पासष्ट धांवड्यांनी हारयलो.

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तर छत्तीसगड, पूर्व मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांत व्हड प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. ईशान्य भारत, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, हरियाणा, दिल्ली, बिहार, झारखंड आनी दक्षिण भारताच्या कांय वाठारांनीय व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा. तेभायर, मध्य प्रदेश, बिहार, राजस्थान, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक ह्या सारक्या जायत्या राज्यांनी व्हड प्रमाणांत वादळ आनी जोगला मारून पावस पडपाची शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.

**इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर**